## मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर गोंय मुक्ती दीस सुवाळो जालो
## पर्यावरण मंत्र्याहस्तुकीं तिरंगो बावटो हुबयलो

ता. 19 डिसेंबर 2024

मडगांवच्या माथानी साल्डाना प्रशासकीय संकुलांत आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीन सुवाळ्यात पर्यावरण मंत्री श्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो.

ह्या वेळार उलयताना श्री सिक्वेरा हांणी जनतेक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयली. तांणी विद्यार्थी आनी युवा शक्ती देशाची संपत्ती आशिल्ल्याचे सांगून देशाचो फुडार तांच्या हातांन आशिल्ल्याचे म्हणले. जीणेत यशस्वी जावपा खातीर प्रत्येकान सकरात्मक विचारातल्यान पावलां मारपाची आनी आपल्या कर्तव्याकडेन बांदील रावपाची गरज आसा, अशें सांगलें.

फुडें उलयतना श्री. सिक्वेरा हांणी सांगले, सरकार लोकांच्या कल्याणा खातीर आनी राज्याच्या सर्वांगी विकासा खातीर वावर करता. आमच्या सोबीत राज्याचो फुडार सुरक्षीत करपा खातीर सरकार आनी लोकांनी एकवटान प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें. देशाच्या स्वातंत्र्या उपरांत चौदा वर्सांनी गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जाले. गोंय मुक्ती खातीर खातीर अनेक सुटके झूजाऱ्यांनी आपल्या जीणेचो त्याग केलो, तांच्या त्यागाचो उगडास करून तांकां आमी नमन करूया, अशें सिक्वेरा हांणी सांगलें.

गोंयच्या मुक्ती खातीर बलिदान दिल्ल्या सुटके झूजाऱ्यांक आनी तांच्या कुटुंबीयांक सरकार विसरूक ना. सरकारान तांच्या भुरग्यांक नोकरी दिवपाचे काम केला, तशेंच सरकारान ह्या वर्सा हुतात्म्यांच्या योगदानाचो भोवमान करपाचो निर्णय घेवन गोंय मुक्ती चळवळीत हुतात्मे जाल्ल्या 15 सुटके झूजाऱ्यांच्या पयल्या पिळगेचे म्हळ्यार पुत-चलयांचो राज्य सरकारान गोंय मुक्ती दिसाच्या पुर्व संध्येक दरेकी 10 लाख रूपया आनी मानपत्र दिवन भोवमान केलो, अशेंय तांणी सांगलें.

केंद्रात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी आनी गोंय राज्यांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला सरकार देश आनी राज्याच्या उदरगती खातीर नेटान प्रयत्न करतात, अशें सांगून श्री. सिक्वेरा हांणी ह्या वर्सा सरकारान पोरण्या गोंयच्या सेंट फ्रान्सीस झेवियर पवित्र कुड दर्शन सुवाळ्या खातीर सरकारान योग्य वेवस्था केल्ल्याचेय नमुद केले.

दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लिटस आनी दक्षीण गोंय पुलीस अधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत हांणी सुवाळ्याच्या थळार मंत्र्याक येवकार दिलो.

ह्या वेळार मडगाव परिसरातल्या शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्ती गीतांचो कार्यक्रम सादर केलो.

आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थ्यी, नागरीक आनी सरकारी अधिकारी सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्लें.
म्हा /सप/ / विगां/ 2024/710

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.